गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें

पणजी गोंय

<u>सरकारी पत्रक</u>

**राज्यपाला हस्तूकीं राजभवनार ई-पास सेवेचो शुभारंभ**

ता. 26 ऑगस्ट 2019

राजभवनार भेट दिवप्यांक सोंपेंपणी भेटेची वेळ दिवपा खातीर आयज राजभवनार राज्यपाल श्रीमती मृदुला सिन्हा हांणी ई-पास सेवेचो शुभारंभ केलो.ह्या सेवेक लागून राज्यपालाची भेट मागपाक सोयीचे जातले तशेंच राजभवनार भेट दिवप्यांची नोंद दवरप सोपे जातले.

ई-पास सेवेखातीर सॉफ्टवेअर तयार केल्ले खातीर राज्यपालान गोवा इलेक्ट्रॉनिक लिमिटेडच्या यत्नांची तोखणाय केली.

राज्यपालाच्या भेटेची वेळ मागप्यांक sms /email धाडून भेटेची वेळ निश्चित जाल्ल्याचे कळयतले. तशेंच सुरक्षा अधिकाऱ्यांक गेटपास जारी करप सोपे जातले. राज्यपालाच्या भेटेचे वेळेखातीर राज्यपाल कार्यालयातल्या ADC कडेन संपर्क केले उपरांत ADC आपलो अहवाल राज्यपालाच्या मान्यताये खातीर धाडटले आनी मान्यताय मेळ्ळे उपरांत सुरक्षा अधिकाऱ्यांक कळयतले. राजभवनार भेट दिवपी व्यक्तिचो फोटो घेवन ताका गेटपास दितले.

ई-सेवेच्या शुभारंभ कार्यक्रमाक राज्यपालाचे सचीव श्री. रूपेश कुमार ठाकुर, एडीसी विश्राम बोरकर, जोड सचीव बिजू नाईक, गोव इलेक्ट्रॉनिकच्यो सीईओ रेवती मजूमदार, आयटी वेवस्थापक मयूर पेडणेकर, पुष्कर प्रभूदेसाई, श्रेया गुरव आनी हेर अधिकारी हजर आशिल्ले.

म्हा /सप/ एमएस/ जॉआ/ विगां/ 2019/544

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA